०८-१०-२०२५

सकाळी : ७.२५

प्रादेशिक खबरो

म्हजे घर बसका - १५०

कोमुनिदाद, सरकारी तशेंच खाजगी जमिनींतली अनधिकृत घरां अधिकृत करपी म्हजें घर येवजणेच्या कार्यवाये खातीर मुखेलमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हे आयज मंत्रालयात उंचेल्या पांवड्याचेर बसका घेतले. केंद्रीय गृहमंत्री अमीत शहा हांचे हस्तुकीं शेनवारा 4 ऑक्टोबराक म्हजें घर येवजणेचो शुभारंभ जालो. हे येवजणेचो राज्यातल्या निम्मे परस चड लोकांक लाव जातलो, अशें केंद्रीय गृहमंत्री अमित शहा हांणी कार्यावळींत स्पश्ट केले.

पावसाळी अधिवेशनांत सरकारान घरां अधिकृत करपा खातीर तीन वेगवेगळी विधेयकां संमत केली. ह्या विधेयकांक राज्यपालांची मान्यताय मेळिल्ल्यान तांचें कायद्यांत रूपांतरण जालां. कायद्याची कार्यवाही 4 ऑक्टोबर सावन लागू करपी अधिसुचोवणी जारी जाल्या. आयचे बसकेत कार्यवायेचो नियाळ जातलो.

Purple fest 190

9-12 october ह्या काळात जावपी international festival क 25-30 देशातले सुमार 15 हजार प्रतीनीधी वाटो घेवपाचे आसात अशी म्हायती गोंय दिव्याग सक्षमीकरण खात्याचे मंत्री सुभाश फळदेसाय हांणी दील्या. ह्या फेस्टाचे 90% काम पुराय जाला. दील्ली आयआयटीच्या जोडपालवान ह्या फेस्टीवला खातीर विशेश ॲप तशेंच हेर तंत्रीक सुविधा उपलब्ध केला. BYTE इंडोर

ह्या महोत्सवात केंद्रीय मंत्री विरेंद्र कुमार,रामदास आठवले, जोड राश्ट्राचे अध्यक्ष shambi shark , मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत, हाजीर रावतले. ह्या महोत्सवा वेळार 2 हजार दीव्यांग व्यक्तींक तांका लागपी यंत्रणाचे वाटप करतले.

हे शिवाय एकाच वेळार 65 चांचण्यो करपी माखना वरवी दीव्यांग व्यक्तींची शारीरीक चांचणी जातली अशी म्हायती मंत्री फळदेसाय हांणी दील्या. गोयांत सुमार 80-90 हजार दीव्यांग व्यक्ती आसात, हांतुल्ले 35 हजार दीव्यांग व्यक्ती नोंदणीकृत आसात.बेगिनच राज्यातल्या दीव्यांग व्यक्तीचो सर्वे सुरू करतले. तालुका पांवड्यार ही आकडेवारी स्पश्ट जातकुच अशा व्यकींक लागपी सुवीधा, उपकरणा गरजुंक दीतले. हे शिवाय तिंच्या रोजगाराचो प्रस्न लेगीत सरकार सुटावो करतले अशी म्हायती ह्यावेळार मंत्री सुभाष फळदेसाय हांनी दील्या. ह्या फेस्टाखातीर 14 कोटी रूपया खर्च जावपाचो अदमास तांणी ह्यावेळार दीला. महोत्सवात 21 तऱ्हेच्या disablity चेर तज्ञ मनशांच्यो 25 परीशदो जातल्यो.हांतुन दीव्यांग व्यक्तीच्या सक्षमीकरणाखातीर धोरण आखपाचो मसुदो तयार जातलो अशी म्हायती तांणी दील्या.  Byte परपल

ठाकरे पत्रकार परिशद - १३०

आम आदमी पक्षाक कोणा कडेन लढपाचें आसा? भाजपा काय कॉग्रेसी कडेन? हें तांणी स्पश्ट करपाक जाय. आपल्या पक्षांत कितें चल्लां, हें तांणी पयलीं पळोवपाक जाय. देशाच्या बऱ्या खातीर आपान आपली भुमिका स्पश्ट करची, अशी मागणी कॉग्रेसीचे गोंयचे प्रभारी माणिकराव ठाकरे हांणी केली. प्रदेश वेंचणूक समितीची बसका घेतले उपरांत कॉग्रेस हावजांत तांणी पत्रकार परिशद घेतली. विधीमंडळ फुडारी युरी आलेमांव, आमदार कार्लुस फेरेरा, प्रदेश कॉग्रेस अध्यक्ष अमित पाटकार, आदले खासदार फ्रान्सिस सार्दिन, कॉग्रेस कार्यकारिणी वांगडी गिरीश चोडणकार हे वेळार हाजीर आशिल्ले.

गोंयांत भाजप सरकाराक कॉग्रेसीचें प्रत्यक्ष वा अप्रत्यक्ष तरेन फाटबळ आसा, असो आरोप आपचे राष्ट्रीय संयोजक अरविंद केजरीवाल हांणी राज्यांत केलो. तांच्या ह्या आरोपाक लागून कॉग्रेस आनी आपांत व्हड दरी निर्माण जाली. हेच फाटभूंयेर प्रभारी ठाकरे हांणी भुमिका स्पश्ट करपाचें आवाहन ‘आपा’क दिलां. हेर विरोधी पक्षां कडेन युती करपाचेर केंद्रीय नेतृत्व निर्णय घेतलें, अशें ताणी सांगलें.

35

आकाशवाणी पणजी केंद्र कंत्राटी पद्धतीचेर खबरा वाचका खातीर अर्ज मागयता. पदवी धर कोकणी भाशेचे पुराय गिन्यान तशेच भाषांतर करपाचेर प्रभुत्व आसप गरजेचे. अर्ज पावपाची निमणी तारीख 20 **oct** आसा. अधिक माहिती खातीर आकाशवाणीच्या खबरा विभागा कडे संपर्क साधचो.

तापमान 30

राज्यात फुडले काय दिस काय वाठरांनी हल्को ते मध्यम प्रमाणात पावस पडू येता असो अदमास गोंय वेधशाळेन उक्तायला. पणजेत कमाल तापमान 31.3 डिग्री सेल्सिअस नोंद जाला तर किमान तापमान 24 डिग्री सेल्सिअस नोंद जाला.

क्रिकेट - ४०

आईसीसी बायलांच्या एका दिसाच्या संवसारीक कप क्रिकेट वस्तादपण सर्तीत काल गुवाहाटीत जाल्ल्या खेळात इंग्लंडान बांग्लादेश पंगडाक चार गड्यांनी हारयले. बांगलादेश पंगडान दिल्ले १७९ धावंड्यांचे मोख इंग्लंड पंगडान ४६.१ शटकात हुंपले.आयज कोलंबोतल्या आर प्रेमदासा स्टेडियमाचेर ऑस्ट्रेलिया आनी पाकिस्तान पंगडामदी खेळ जातलो.